दिल्लीचे नवे मुखेलमंत्री वेंचून काडपाखातीर आयज सांजे नवी दिल्लींत भाजपाच्या विधीमंडळ पक्षाची बसका जातली.हे बसकेंत दिल्ली विधानसभे खातीर जाल्ले वेंचणुकेंत नव्यान वेंचून आयिल्ले भाजपाचे आमदार तशेंच पक्षाचे वडील वांगडी वांटेकार जातले.बसकेंत दिल्ली च्या नव्या मुखेलमंत्र्यांचें नांव घोशीत जातलें.मजगतीं,पक्षान बसकेखातीर दोन नव्या केंद्रीय निरिक्षकांचीं नांवां घोशीत केल्यांत तातुंत पक्षाचें वडील फुडारी आनी खासदार रवी शंकर आनी राष्ट्रीय सचीव ओम प्रकाश धनखड हांचो आस्पाव आसा.नव्या मुखेलमंत्र्यांचो सोपूतविधी फाल्यां सकाळीं रमिला मैदानाचेर जातलो.नवी दिल्लीच्या विधानसभे खातीरजाल्ले वेंचणुकेंत भाजपान ७० सुवातां मजगतच्या ४० सुवातांनी जैत जोडलां.

वेंचणूक आयुक्त 75

मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांणीं आयज नवी दिल्लींतल्या निर्वाचन सदनांत आपलो पदभार सांबाळ्ळो.

राजीव कुमार हांचो कार्यकाळ सोंपतकच ज्ञानेश कुमार हांची वेंचणूक आयोगाचे मुखेल आयुक्त म्हणून नेंमणूक जाल्या. ज्ञानेश कुमार हाचे आदीं संसदीय वेव्हार मंत्रालयांत सचीव पदाचेर आशिल्ले.

राष्ट्र निर्मिती खातीर पयलें पावल म्हणल्यार मतदान आनी 18 वर्सां पुराय केल्ल्या भारतांतल्या दरेका नागरिकान मतदार जावन सदांच मतदान करचें अशें ज्ञानेश कुमार हांणी मुखेल वेंचणूक आयुक्त म्हणून पदभार सांबाळ्ळ्या उपरांत लोकांक दिल्ल्या संदेशांत म्हळां.

डॉ. एस. जयशंकर 80

दक्षिण आफ्रिकेचे आंतरराष्ट्रीय संबंध आनी सहकार मंत्री रॉनाल्ड लामोला यांच्या आमंत्रणा वेल्यान विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर जोहान्सबर्गांत जावपी जी-२० विदेश मंत्र्यांच्या बसकेंत वांटेकार जावपा खातीर फाल्यां सावन दक्षिण आफ्रिकेच्या दोन दिसांच्या भेटेर वतले.

विदेश मंत्र्यांचे बसकेंत डॉ जयशंकर हांणी वांटो घेतिल्ल्यान जी-20 देशांच्या गटा कडेन भारताचे संबंद घटमूट जातले आनी ह्या म्हत्वाच्या मंचाचेर ग्लोबल सावथाचो आवाज घटमूट जातलो अशें विदेश वेव्हार मंत्रालयान म्हळां. हे बसकेंत ड़ॉ जयशंकर कांय देशांच्या विदेश मंत्र्यां कडेन चर्चा करतले अशी आस्त आसा.

एनडीआरएफ 90

फाटल्या वर्सा हुंवार, भूंयकांप, वादळ अशा सैमीक संकटांक तोंड दिवपाक लागिल्ल्या पांच राज्यांक केंद्र सरकारान 1 हजार 554 कोटी रुपयां परस चड मजत दिवपाक मान्यताय दिल्या.

केंद्रीय घरमंत्री अमित शहा हांच्या फुडारपणाखाला उंचेल्या पांवड्यावेल्या समितीन हे खातीर मान्यताय दिल्या आनी राष्ट्रीय आपत्ती प्रतिसाद निधींतल्यान निधी दितले.

आंध्र प्रदेशाक 608 कोटी रूपया, नागालँडाक 170 कोटी, ओडिशाक 255 कोटी रूपया, तेलंगणाक 231 कोटी रूपया, जाल्यार त्रिपुराक 288 कोटी रुपया दितले अशें घर मंत्रालयान सांगलां. ही अतिरिक्त मजत केंद्रान हे आदीं त्या राज्यांक दिल्ल्या राज्य आपत्ती प्रतिसाद निधी भायर आसा अशेंय घर मंत्रालयान सांगलां.

शिवजयंती 175

छत्रपती शिवाजी महाराज  हांची ३९५वी जयंती आयज सगळीकडेन व्हडा उमेदीन मनयली.  हे निमतान वेगवेगळ्या वाठारांनी भव्य मिरवणुको, शोभायात्रा, व्याख्यानां, चित्र प्रदर्शनां अश्यो वेगवेगळ्यो कार्यावळी आयोजित केल्ल्यो.

मिरवणुको आनीं पदयात्रांनीं शिवकाळ साकारपी वेशभूशा तशेंच कसरत करतब दाखोवपी कवायती लक्ष वेधून घेताल्यो.

हे निमतान  प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी  छत्रपती शिवाजी महाराजांक  अभिवादन केलां.  शिवाजी महाराज हांच्या कार्यांतल्या बळिश्ट, आत्मनिर्भर आनी  समृद्ध भारत घडोवपी खातीर प्रेरणा मेळटा अशी भावना तांणी समाजिक माध्यमावेल्यान दिल्ल्या  संदेशातल्यान व्यक्त केल्या.

नवी दिल्लीतल्या लाल किल्ल्याचेर  शिवजयंती निमतान खासा कार्यावळ आयोजित केल्ली.   वेगवेगळ्या वाठारांनीं जय शिवाजी – जय भारत पदयात्रेचें आयोजन  केल्लें तांतूत  युवावर्ग व्हडा संख्येन  वांटेकार जाल्ले.

महाराष्ट्राचे राज्यपाल सी. पी राधाकृष्णन हांणीं मुंबयत  शिवाजी महाराजांच्या पुतळ्याक पुष्पांजली अर्पण करुन अभिवादन केलें.

शिवाजी महाराजांचें जन्मथळ शिवनेरी किल्ल्याचेर  शिवजन्मोत्सव उत्साहान मनयलो. महाराष्ट्राचे मुखेलमंत्री देवेंद्र फडणवीस, उप मुखेलमंत्री एकनाथ शिंदे आनी अजित पवार ह्या वेळार हाजीर आशिल्ले.

पुण्यांत केंद्रीय युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्री डॉ. मनसुख मांडविया  तशेंच मुखेलमंत्री देवेंद्र फडणवीस हांच्या उपस्थितींत जय शिवाजी – जय भारत पदयात्रा काडली.  छत्रपती शिवाजी महाराज पराक्रमी राजा तशेंच उत्कृष्ट शासक आनी  वेवस्थापन गुरु आशिल्ले अशें  फडणवीस हांणी ह्या वेळार सांगलें.